आकाशवाणी पणजीच्या
राष्ट्रीय खबरो

Date : 17/03/2026 6.30 PM

मनशाच्या जिवितांत संद निर्माण करपी शिक्षण हें म्हत्वाचें साधन आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हटला .शिक्षण येसस्वी जावपाची वाट मेकळी करता. सशक्तीकरण आनी क्षमता निर्माण करपाची प्रक्रिया शाळा पांवड्यार सुरू जाता हचेर तांणी भर दिलो. सरकाराच्या 'प्रधानमंत्री पोशन शक्ती निर्माण येवजणे' खाला भुरग्यांक दिवपी पुष्टिक आहार हो देशाच्या मनीस भांडवलांत म्हत्वाची गुंतवणूक आसा अशे ताणी म्हंटला. अक्षय पात्र फावंडेशनान नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत त्यो उलयताल्यो .

अस्तंत आशियांत सध्या तणाव आसून लेगीत भारतीय अर्थवेवस्था घटमूट आसा अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें. आयज लोकसभेंत प्रस्न वराक पूरक प्रस्नांक जाप दितना ताणी सांगलें,

भलायकी विमो हे सरकाराचें प्राधान्य आसा आनी सरकार वर्स 2033 मेरेन सार्वत्रिक विमा संरक्षण दिवपाचे दिकेन वावुरता अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां..राज्यसभेंतल्या प्रस्न वेळार जाप दितना ताणी सांगलें की

भौशीक आनी खाजगी विमो कंपनी तशेंच सरकाराच्या आदारान विमो कंपनींचो ह्या कव्हरेज विस्तारांत वांटो आसा अशें ताणी मुखार सांगलें. खासा करून गरीब आनी गरजेवंतांक प्रीमियम दर परवडपी दवरपाचेर सरकाराचें लक्ष आसा हाचेर ताणी भर दिलो.

शेतकारांक दाव्यांचे पैशे वेळार फारीक करपा खातीर आनी पारदर्शकता आनी जापसालदारकी सुनिश्चीत करपा खातीर सरकारान प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजणेंत दुरुस्ती केल्या अशे आयज लोकसभेंत पूरक प्रस्नांक जाप दितना कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें,. तशेच शेतकारांक तांच्या उत्पादनाक फावो तें मोल मेळचें हे खातीर सरकार उणे आधारी मोलात पिकांची खरेदी करता अशें ताणी मिखर सांगलें.

सुमार 46 हजार मेट्रीक टन एलपीजी घेवन भारतीय बोट 'नंदा देवी' आयज गुजरातांतल्या वाडीनार बंदरांत पावली. हें बोटीन होर्मुझ सामुद्रधुनींतल्यान भारतांत प्रवेश केलो. हे बोतीतलो 46 हजार मेट्रीक टन एलपीजी आता ल्हान बोटीत हस्तांतरीत करून एनोर आनी हल्दियाक धाडटले अशी म्हायती दीनदयाल बंदर प्राधिकरणाचे अध्यक्ष सुशील कुमार सिंग हांणी दिल्या.

मजगती काल आनीक एक एलपीजी वाहक बोट मुंद्रा बंदराचेर पाविल्ली हाका लागून देशांतल्या वायू सांठ्यांत वाड जाल्या आनी सध्या गॅस पुरवणेत उणाव ना अशें अधिकाऱ्यांनी सांगलां.

बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालयाचे खाशेले सचीव राजेश कुमार सिन्हा हांणी आखाती वाठारांतले सगळे भारतीय खलाशी आनी बोटी तारवां सुरक्षीत आसात अशें सांगलां. अस्तंत आशियांतल्या नव्या

घडामोडीं विशीं आयज नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन पत्रकार परिशदेंत ताणी ही म्हायती दिली. फाटल्या 24 वरांत आखाती देशांतल्यान 161 भारतीय खलाशी परतून हाडल्यात अशें तांणी सांगलें.

भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरातल्या काय सुवातिनी वीज आनी वादळी वारया खातीरचो  ऑरेंज अलर्ट जारी केला. तशेच फुडल्या दोन दिसांनी झारखंड, आंध्र प्रदेश,अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार, छत्तीसगड, हिमाचल प्रदेश, महाराष्ट्र, ओडिशा, तेलंगणा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात अशाच हवामानाची शक्यताय आसा.

‘ऑर्लियन्स मास्टर्स सुपर 300’ बॅडमिंटन सर्त आयज फ्रांसांत सुरू जाल्या. भारतीय खेळगडो किदम्बी श्रीकांत आयुष शेट्टी आनी तन्वी शर्मा फाल्यां आपलो खेळ खेळटले . भारताचो एच.एस. प्रणॉय खांद्याक दुखापत जाल्ल्यान सर्तींतल्यान भायर सरला

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  -